11.02.2026 सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र - प्रादेशिक खबरा विभागा

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी आयज केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 विशीं चर्चा सुरू जातली.

विरोधकांनी आपल्या आड हाडिल्ल्या अविस्वास प्रस्तावाचेर निर्णय जाय मेरेन आपूण सभाघराचे कार्यवाहींत वांटो घेवचो ना अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी थारायलां.

भारत कच्चें तेल सवाय आनी बऱ्या दर्जाचें आशिल्ल्या देशांतल्यान आयात करतलो आनी भूराजनीतीक परिस्थिती आनी मंजुरी नाशिल्ल्या स्रोतांचो विचार करून भारतीय तेल कंपनीं तेल विकतें घेतल्यो अशे सरकारान सांगलां.

काल विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी ब्रिक्स 2026 शेर्पा आनी देशाच्या प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादलो.

2026 वर्साचो गोंय कार्निवाल 13 ते 17 फेब्रुवारी मरेन मनयतले.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत काल रातीं कोलंबोच्या सिंहली स्पोर्ट्स क्लबांत जाल्ल्या खेळांत पाकिस्तानान अमेरिकेक 32 धांवड्यांनी हारयलो.

संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी आयज केंद्रीय अर्थसंकल्प 2026-27 विशीं चर्चा सुरू जातली. सध्याच्या राजकीय आनी अर्थीक अस्थिरतायेच्या काळांत भारत व्यापक अर्थीक वाड आनी स्थिरताय हांचे दुर्मिळ उदाहरण म्हणून उदेला अशे काल राज्यसभेंत जाल्ले चर्चेंत वांटो घेतना शिवसेनाचे खासदार मिलिंद देवरा हांणी सांगलें. अर्थसंकल्पांत अर्थीक वाडीचो दर वाडोवप, लोकांची अपेक्षा पुराय करप आनी समाजीक क्षेत्रांत सगळ्यो येवजण्यो लोकां मेरेन पावपाची खात्री करप हांकां प्राधान्य दिलां अशे भाजपाचे सुरेंद्र सिंग नगर हांणी सांगलें. मजगतीं, लोकसभेंत चर्चा सुरू करतना कॉंग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांणी सरकारी खर्च उणो जाला आनी कराची पावती सपाट उरल्या अशें सांगून अर्थसंकल्पाचेर टिका केली. अंदूच्या अर्थसंकल्पांत बेकारी, वाडपी जिणेचो खर्च, असमानते कडेन दुर्लक्ष जाला असो आरोप तांणी केला. तशेंच वेगवेगळ्या कल्याणकारी येवजण्यां संबंदीत निधीचो कमी वापराचो प्रस्न तांणी मांडलो.

विरोधकांनी आपल्या आड हाडिल्ल्या अविस्वास प्रस्तावाचेर निर्णय जाय मेरेन आपूण सभाघराचे कार्यवाहींत वांटो घेवचो ना अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी थारायलां. काल विरोधकांनी श्री बिर्ला हांचे आड अविस्वास प्रस्तावाची नोटीस दिली आनी ती लोकसभेच्या सरचिटणीसा कडेन सादर केल्या. लोकसभा सचिवालयाच्या सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ही नोटीस नेमा प्रमाण तपासतले आनी फुडली कारवाय करतले. महासचिवा कडेन सादर केल्ले हे नोटीसचेर काँग्रेस, डीएमके, समाजवादी पार्टी, राजद पक्षां सयत विरोधी पक्षांतल्या 118 खासदारांनी सयो केल्या, जाल्यार तृणमूल काँग्रेसीच्या खासदारांनी हे नोटीसचेर सयो करूंक ना.

भारत कच्चें तेल सवाय आनी बऱ्या दर्जाचें आशिल्ल्या देशांतल्यान आयात करतलें आनी भूराजनीतीक परिस्थिती आनी मंजुरी नाशिल्ल्या स्रोतांचो विचार करून भारतीय तेल कंपनीं तेल विकतें घेतले अशे सरकारान सांगलां. विदेश वेव्हार आनी वाणिज्य मंत्रालयांच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी काल काँग्रेस फुडारी शशी थरूर हांच्या फुडारपणा खाला विदेश वेव्हार खात्याचे संसदीय स्थायी समिती कडेन ही गजाल सांगली. श्री थरूर हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें, हे बसकेक 30 वांगड्यांतले 28 वांगडी हाजीर आशिल्ले आनी ती अत्यंत प्रभावी थारली. बसकेचो चडसो वेळ भारत-अमेरिका वेपार करार आनी भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कराराक दिल्लो, आनी रशियन तेल आनी शेतकी उत्पादनां सयत सगळ्या विशयांचेर चर्चा जाली अशे श्री थरूर हांणी सांगलें.

काल विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी ब्रिक्स 2026 शेर्पा आनी देशाच्या प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादलो. ब्रिक्स 20 वर्सां पुराय करतना आंतरराष्ट्रीय सहकार, सल्लागार आनी समन्वय हांचे खातीर ती एक मोलादीक माची म्हणून उबी आसा आनी आपलो लोक केंद्रीत अजेंडा मुखार व्हरता अशे सोशल मिडियाचेर डॉ जयशंकर हांणी सांगलें. ब्रिक्स 2026 च्या नवनिर्माण, सहकार आनी टिकावूपणाच्या प्राधान्यांक मुखार व्हरपा खातीर वेगवेगळ्या प्रतिनिधी मंडळांनी हाडिल्ल्या सुचोवण्यांचेर आपूण विचार करता अशें मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें.

भारत आणि अमेरिका मदल्या अंतरिम व्यापार कबलातीचे निर्यातदारांनी स्वागत केला. प्लास्टीक एक्सपोर्ट प्रमोशन कौन्सिलचे वांगडी अरविंद गोएंका हेविशी उलयताले. Byte

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सीबीआय आनी भारतीय सायबर गुन्यांव समन्वय केंद्र आय4सीक एनआयए, ईडी आनी बँकां सारकिल्ल्या हेर संस्थां वांगडा समन्वयात्मक आनी अत्यंत सुरक्षीत यंत्रणा तयार करपा खातीर एक जोड पद्दत तयार करपाक सांगलां तशेच नव्या तंत्रगिन्यानाचो वापर करून गुन्यांव करप्यांक आडावपा खातीर आमी दोन पावलां फुडें रावपाक जाय अशे मंत्री शहा

हाणी सांगले. काल नवी दिल्लींत 'सायबर आदारीत फटवणूक आडावप आनी ताचे फाटल्यान आशिल्ली यंत्रणा खंडीत करप' ह्या विशयाचेर जाल्ले राष्ट्रीय परिशदेंत उमोवप करताले.

केंद्रीय संसदीय मंत्री किरेन रिजिजू हाणी विरोधी पक्षाच्या खासदारांचेर लोकसभेच्या कामकाजात आडमेळी हाडपाचो आरोप केला. त्यांच्या वागण्या वेल्यान अशे दिसता की त्यांका सभागृहाच्या प्रतिष्ठेचो आदर ना. भाजप खासदारांनी, विशेषतः बायला खासदारांनी काँग्रेस खासदारांच्या वर्तना आड लोकसभा अध्यक्षांकडे कड़क कागाळ केल्या. बायला खासदारांनी प्रधान मंत्र्यांक भिवयले असो दावो करतात असो आरोप मंत्र्यांनी केलो. काँग्रेस वांगड्यानी केल्ले हे लज्जास्पद कृत्य आसा जे संसदीय लोकशाय आड आसा अशे रिजीजु उलयले. Byte

भारतान आता मेरेन एकूण २७२ गिगावॅटची अक्षय ऊर्जा क्षमता गाठल्या नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी सांगले. काँग्रेसीच्या राजवटीत देशाची अक्षय ऊर्जा क्षमता फक्त ८१ गिगावॅट आशिल्ली अशे राज्यसभेत प्रश्नोत्तराच्या वरा वेळार एका प्रश्नाची जाप दितना जोशी हाणी म्हणले. सौर ऊर्जा क्षमता, जी आदी फक्त २.८ गिगावॅट आशिल्ली, ती आता लक्षणीयरीत्या वाढून १३६ गिगावॅट जाल्या अशी ताणी म्हायती दिली. भारत आज जगातलो तिसऱ्या क्रमांकाचो अक्षय ऊर्जा उत्पादक देश म्हणून उदेता अशेय ताणी मुखार सांगले. (बाइट - प्रल्हाद जोशी)

गोयच्या फामाद कार्निवाल 2026 चें वेळापत्रक राज्य पर्यटन खात्यान अधिकृतपणान जाहीर केल्ल्यान गोंय ह्या रंगीत हंगामा खातीर तयारी करता.हो उत्सव 13 फेब्रुवारी ते 17 फेब्रुवारी मेरेन चलतलो, आनी नामनेच्या फ्लोट परेडांतल्यान अस्सल गोंयची संस्कृताय दाखोवपाचेर भर दितले. ह्या शुक्रारा सावन परवरी जावपी कार्यावळीन महोत्सवाची सुरवात जातली.

मुंबयत ह्या म्हयन्याच्या 17 ते 19 मेरेन पयलो मुंबय हवामान सप्तक घडोवन हाडटले आनी तातूंत जायते नामनेचे जागतीक आनी भारतीय व्यक्ती एकठांय येतले. बिल गेट्स, सचिन तेंदुलकर हे मानेस्त ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाची अपेक्षा आसा. मुंबय हवामान सप्तकग्लोबल साऊथच्या हवामान फुडारपणाक एक मंच म्हूण काम करतलो.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत काल रातीं कोलंबोच्या सिंहली स्पोर्ट्स क्लबांत जाल्ल्या खेळांत पाकिस्तानान अमेरिकेक 32 धांवड्यांनी हारयलो. आयज सकाळीं 11:00 वरांचेर अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर दक्षिण आफ्रिका आनी अफगाणिस्ताना मजगती खेळ जातलो. मजगती, कोलंबोतल्या आर. प्रेमदासा स्टेडियमाचेर दनपरा तीनाक ऑस्ट्रेलिया आयर्लंदा आड खेळातली. सांजवेळा 7 वरांचेर मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर इंग्लंड आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं खेळ जातलो.